30th July 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- लोकसभेत ऑपरेशन सिंदूरचेर जाल्ल्या खासा सत्रात, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले, कि खंयच्याच संवसारीक फुडाऱ्यान, भारताक ऑपरेशन सिंदूर थांबोपाक सांगिल्लें ना.
- इस्रो आयज श्रीहरिकोटासावन, जीएसएलव्ही-एफ16 रॉकेटाचो उपेग करून, पृथ्वी पर्वेक्षण उपगीरो, निसारचे प्रक्षेपण करतली.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन, अस्तंत बंगाल आनी झारखंडाच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो.
- आयकर खात्यान आयकर विधेयक 2025 खाला, कर दरांत, कसलोच बदल न्हयकारला.
- रशियेच्या काम-चटका व्दीपकल्प पॅसिफीक दर्यादेगेर, आयज 8 पूज्य 7 रिक्तर बळिश्ट ताकीचो भूंयकांप जाणवलो.

एल एस ऑपरेशन सिंदुर -

खंयच्याच संवसारीक फुडाऱ्यान, भारताक ऑपरेशन सिंदूर थांबवपाक सांगिल्लें ना, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. अमेरिकेच्या दबावा खाला, पाकिस्ताना कडेन झुजबंदी करपाक मान्यताय दिल्ल्याचो आरोप, विरोधकांनी केल्ल्या उपरांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी, ही गजाल सांगली. आता आपूण आनीक त्रास सोंसूंक शकनात, अशी विनवणी करून ऑपरेशन सिंदूर बंद करपाक, पाकिस्तानांन भारताक आवाहन केले, अशें तांणी सांगलें. अमेरिकेच्या उप राष्ट्राध्यक्षाकडेन जाल्ले उलोवणी वेळार, भारतान आपली भुमिका स्पश्ट केली, की पाकिस्तानान हल्लो केल्यार, भारत मोठो हल्लो करून, ताका जाप दितलो. लोकसभेंत ऑपरेशन सिंदूराचेर जाल्ले खाशेले चर्चेक जाप दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि भारतान ऑपरेशन सिंदूरच्या काळांत, पाकिस्तानाच्या भितरल्या भागांत आशिल्लीं, आतंकवादी शिबिरां नश्ट केलीं. तांणी सांगलें, कि पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत, भारतान

पाकिस्तानाक फावो ती जाप दिली आनी भारतीय सशस्त्र दळान फक्त 22 मिनटांनीच, 22व्या आतंकवादी हल्ल्याचो, सूड घेतलो.

इसरो निसार -

इस्रो आयज श्रीहरिकोटासावन, जीएसएलव्ही-एफ16 रॉकेटाचो उपेग करून, पृथ्वी पर्वेक्षण उपगीरो निसारचे प्रक्षेपण करतली. भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संस्था, नासा-इस्रो सिंथेटिक एपर्चर रडार म्हळ्यार निसार हो उपगिरो आयज प्रक्षेपित करतली. सतीश धवन अंतरिक्ष केंद्रावयल्यान, सांजे 5 जावन 40 मिनिटांचेर हे प्रक्षेपण जातले. काल दनपारां 2 जावन 10 मिनिटांचेर या प्रक्षेपणाची उरफाटी मेजणी सुरू जाली. ह्या मिशनांत, दर 12 दिसांनी पुराय धर्तरेचें स्कॅन करपाचो हेत आसा. हातूंतल्यान हवामान बदल संशोधन आनी आपत्ती प्रतिसादा खातीर, उच्च रिझोल्यूशन प्रतिमा मेळतले. ह्या उपग्रहांत नासाचो एल-बँड आनी इस्रोचो एस-बँड रडार आसून, पृश्ठभागाचेर जावपी बदल सेंटीमीटर स्तराचेर नेटान पळोवपाक मेळटलें. निसार धर्तरेच्या प्रक्रियांविशीं शास्त्रीय म्हायती दितले आनी धर्तरेचे जमनीं आनी बर्फांतल्या मुखेल बदलांचो अभ्यास करतले.

Prez – 50

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन अस्तंत बंगाल आनी झारखंडाच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो. अस्तंत बंगाल भेटी वेळार राष्ट्रपती मुर्मू अस्तंत बंगालांतल्या एम्स, कल्याणीच्या पयल्या दीक्षांत सुवाळ्याक उपस्थित रावतल्यो. झारखंडांत एम्स देवघराच्या पयल्या दीक्षांत सुवाळ्याक राष्ट्रपती मुर्मू रावपाच्यो आसात. उपरांत आयआयटी (इंडियन स्कूल ऑफ मायन्स), धनबादच्या 45व्या दीक्षांत सुवाळ्याक त्यो उपस्थित रावतल्यो.

आयटी खाते -

आयकर खात्यान आयकर विधेयक 2025 खाला, कर दरांत कसलोच बदल न्हयकारला. आयटी खात्यान प्रस्तावीत आयकर विधेयक 2025 विशीं, स्पश्टीकरण

जारी करून सांगलां की, फकत भास सोंपे करपा खातीर आनी फायद्याची वा काळांतरान गेल्ली तरतुदी काडून उडोवप, हातूंत आसा. कर दरांत, कसलोच बदल करपाचो प्रस्ताव ना. नव्या विधेयकांतल्यान कांय वर्गांतल्या करदात्यां खातीर, दीर्घकालीन भांडवल फायदो, कर दरांत बदल जातलो, असो दावो जायत्या माध्यमांकडच्यान आयिल्ल्यान, हें स्पश्टीकरण दिलां. सध्याच्या कर संरचनेंत कसलेच बदल करिनासतना, कायदो समजून घेवपाक सोंपें करप आनी सद्याच्यो तरतुदी सुगम करप, हाचेर नवो कायदो केंद्रीत आसा, अशें आयकर खात्यान आपल्या स्पश्टीकरणांत सांगलां. अंदू फेब्रुवारींत जाल्ले अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत, लोकसभेंत हें नवें आयकर विधेयक मांडलें. ते उपरांत, ते लोकसभेचे वेंचून काडिल्ले समिती कडेन धाडले आनी हालींच अहवाल सादर केला.

रशिया भूंयकांप - 60

रशियेच्या काम-चटका व्दीपकल्प पॅसिफीक दर्यादेगेर, आयज 8 पूज्य 7 रिक्तर ताकीचो बळिश्ट भूंयकांप जाणवलो. हो भूंयकांप, जपानांत 2011 वर्सा जाल्ल्या मेगाक्वेव उपरांतचो, सगळ्यांत बळिश्ट भूंयकांप आसा. रशिया आनी जपानाच्या कांय वाठारांनी, सुनामीची शिटकावणी दिल्या. रशियेंतल्या कामचटका व्दीपकल्पांत ३ ते ४ मीटर मेरेन, ल्हारां आयिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळी. लोकांक दर्यादेगेसावन पयस रावपाक सांगलें. जपानांत पॅसिफीक दर्यादेगेर, १ मीटर मेरेन ल्हारां येवपाची, शक्यताय आसा.

Sanchar - 115

संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी काल संचार साथी मोबायल अॅप हिंदी आनी 21 प्रादेशिक भाशांनी सुरू केलो आनी ताका लागून वेग वेगळ्या प्रदेशांनी ते पावप सुनिश्चीत जाला. जानेवारींत सुरू केल्लो हो अॅप वापरप्यांक दुबावीत संवादाची म्हायती दिवपाक, शेणिल्लें वा चोरिल्ले फोन आडावंक वा फोन ब्लॉक करपाक आनी अनधिकृत मोबायल जोडणी तपासपाक परवानगी दिता. ह्या अॅपाचे 46 लाखां परस चड डावनलोड जाल्यात. दूरसंचार संबंदीत सायबर फटवणूक करपा आड यत्न आनीक घटमूट करपा खातीर नवी दिल्लींत जाल्ले भागधारक

बसके वेळार सिंडिया हांणी हे सुरू केले.ह्या संवादांत कायद्याची अंमलबजावणी, दूरसंचार सेवा पुरवणदार, अर्थीक संस्था, आनी नागरी समाजांतले मुखेल भागधारक आशिल्ले.तशेंच संचार साथी उपक्रमांचे वेब डेव्हलपर आनी तंत्रीक पंगड तशेंच सी-डॉट,आरपीएफ आनी दूरसंचार खात्याचे वरिश्ठ अधिकारी आसले.

NEP - 120

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 हे संवसारीक दर्जाच्या, शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर तयार केल्ली, तत्वगिन्यानी चौकट म्हूण काम करता आनी विकसीत भारत 2047 चें सपन साध्य करपाचो, सगळ्यांत म्हत्वाचो मार्ग जाला, अशें शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत अखिल भारतीय शिक्षा समागम 202 च्या उक्तावण अधिवेशनांत उलयतना, तांणी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 हे भारतीय शिक्षण वेवस्थेंत परिवर्तनकारी बदल दर्शयता, हाचेर उजवाड घालो. शाळे पयलींच्या शिक्षणाचेर उलयतना तांणी सांगलें, कि देशांत पयलेच खेपे पूर्व शालेय, भुरगेपणाची जतनाय आनी शिक्षण हे संस्थात्मक चौकटीचें रूप घेवपाक लागलां. ह्या धोरणाक लागून समग्र, समावेशी आनी फुडाराक तयार करपी शिक्षण प्रणालीची घट बुन्याद जाता. कार्यावळी वेळार केंद्रीय मंत्र्यान वेगवेगळ्या प्रकल्पांची बुन्याद घाली आनी 'तारा ॲप' तशेच 'माय कॅरियर सल्लागार' ॲप सुरू केले.

(Byte – Dharmendra Pradhan )

Badminton – 120

बॅडमिंटनांत, भारतान मकाऊ ओपन सर्तींत प्रभावी कामगिरी करून बरी सुरवात केली. दादल्यांच्या दोट्टी गटांत, सात्विक साईराज रँकीरेड्डी आणि चिराग शेट्टी ह्या स्टार जोडीयेन, मलेशियाच्या लो हँग यी आणि एनजी एंग चेओंग हांचो २१-१३, २१-१५ असो पराभव करून, दुसऱ्या फेरीत प्रवेश केला. बायलांच्या एकेरी सर्तींत अनमोल खरब आनी तस्नीम मीर हांणी क्वालिफायर जिखून, मुखेल ड्रॉ मेरेन पावल दवरलें. अनमोलान आझर-बैजानची केशा फातिमा अझा-हरा हिचेर 21-11, 21-13 अशी मात केली जाल्यार तास्नीमान, थायलंडाच्या टिडा-प्रोन क्लीबीय-सनाचेर 21-14, 13-21, 21-17 अशी मात केली. दादल्यांच्या दोट्टी पात्रताय सर्तींत डिंगकू सिंग कोंथौ-जाम

आनी अमन मोहम्मद हांणी हॉगकॉगच्या जोडयेचेर 21-18, 21-17 अशी जैत मेळोवन, मुखेल ड्रॉत सुवात मेळयली. भारतांक मिश्र दोट्टी  सर्तींत लेगीत यश मेळ्ळें. टी. हेमा-नागेंद्र बाबू आनी प्रिया कोंजेंग-बाम हांणी मुखेल ड्रॉत पावलं घाले.

फुटबॉल बायलां आशियाई कप  -

फुटबॉलांत भारताक, 2026 वर्साच्या AFC बायलांच्या आशियाई कप खातीर गट सींत दवरला. ताचे वांगडाच बळिश्ट विरोधक जपान, व्हिएतनाम आनी चीनी ताइपे आसात. ऑस्ट्रेलियेंतल्या सिडनी टाउन हॉलांत, काल ही ड्रॉ जाली. भारतीय संघान आशियाई कपांत, मेरिटा प्रमाण आपली सुवात मेळोवपाची, ही पयलीच खेप आसा. सर्तींत अ गटांत ऑस्ट्रेलिया, कोरिया रिपब्लीक, इराण आनी फिलीपीन्स हांचो आस्पाव जाता. जाल्यार ब गटांत डीपीआर कोरिया, चीन पीआर, बांगलादेश, आनी उझबेकिस्तान हांचो आस्पाव जाता.

आयएमडी हवामान  -

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार, उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात एकसुरे सुवातेर, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. छत्तीसगढ, उदेंत मध्य प्रदेश, झारखंड, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल आनी ईशान्य राज्यांतल्या, कांय वाठारांनी लेगीत दीसभर मध्यम ते व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण, जम्मू-काश्मीर, उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, आनी दिल्ली हांगाय हळुवार पावस पडूं येता. फुडल्या 7 दिसांत केरळ, माहे, लक्षद्वीप, कर्नाटक, रायलसीमा, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, यानम आनी तेलंगना हांगा, एकसुरे सुवातांचेर हळुवार ते मध्यम प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, नुस्तेमारांक 3 ऑगस्ट मेरेन अरबी दर्या आनी बंगालच्या खाडी वाठारांत, वचचे न्हय, असो सल्लो हवामान खात्यान दिला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- लोकसभेत ऑपरेशन सिंदूरचेर जाल्ल्या खासा सत्रात, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले, कि खंयच्याच संवसारीक फुडाऱ्यान, भारताक ऑपरेशन सिंदूर थांबोपाक सांगिल्लें ना.

- इस्रो आयज श्रीहरिकोटासावन, जीएसएलव्ही-एफ16 रॉकेटाचो उपेग करून, पृथ्वी पर्वेक्षण उपगीरो, निसारचे प्रक्षेपण करतली.

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन, अस्तंत बंगाल आनी झारखंडाच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर वतल्यो.

- आयकर खात्यान आयकर विधेयक 2025 खाला, कर दरांत, कसलोच बदल न्हयकारला.

- रशियेच्या काम-चटका व्दीपकल्प पॅसिफीक दर्यादेगेर, आयज 8 पूज्य 7 रिक्तर बळिश्ट ताकीचो भूंयकांप जाणवलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार